प्रादेशिक खबरो

१८.०९.२०२५ ७.20 pm

- पारूल विद्यापीठ  ह्या राज्यांतलें पयलें खाजगी विद्यापीठाचे आयज मुखेलमंत्री तशेच शिक्षण मंत्री दोतोर  प्रमोद सावंत हांणी उक्तावण केलें.
- केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हांच्या हाजिरेंत म्हाझे घर येवजण औपचारीकपणान सुरू जातली अशें मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी जाहीर केलें.
- अर्थ मंत्रालयान पात्र केंद्र सरकारी कर्मचारी आणि माजी निवृत्त व्यक्तीं खातीर राष्ट्रीय पेन्शन प्रणाली (NPS) तल्यान युनिफाइड पेन्शन स्कीम (UPS) त बदल करपाक 30 सप्टेंबर ही निमणी तारीख जाहीर केल्या
- पणजीत मिरामार दर्यादिगेर स्वच्छ सागर सुरक्षित सागर अभियाना अंतर्गत दर्यादिग स्वच्छता मोहीम आयोजित केली

<u>रश्मी 70</u>

पणजेच्या कला अकादेमींत जाल्ल्या कार्यावळींत मुखेलमंत्री  तशेच शिक्षण मंत्री दोतोर  प्रमोद सावंत हांणी पारूल विद्यापीठ  ह्या राज्यांतलें पयलें खाजगी विद्यापीठाचे आयज उक्तावण केलें. राज्यात आनीक दोन खाजगी विद्यापिठां खातीर मान्यताय दिल्या  अशी म्हायती ह्यावेळरा मुखेलमंत्र्यान दिल्या. राज्यांत कॅम्पस स्थापन करपी आंतरराष्ट्रीय विद्यापिठांक सरकाराची दारा उक्ती आसा अशें तांणी सांगलें. सध्या ह्या विद्यापिठांत 13 विशयांचे शिक्षण घेवपी 509 विद्यार्थी आसात, तातूंतले 75% गोंयकार आसात, आनी 70% कर्मचारी थळावे आसात अशी  ह्यावेळरा मुखेलमंत्र्यान दिल्या.byte

<u>रश्मी 80</u>

बेकायदेशीर घरा नियमित करपा खातीर राज्य सरकाराच्या म्हाझे घर  येवजणेचो गोंयांतल्या सुमार 50 टक्के लोकांक फायदो जावपाची शक्यताय आसा. कम्युनिदाद आनी सरकारी मालकीच्या जमनीचेर, तशेंच 20 point prog कार्यावळी खाला घरा नियमित करपा खातीर अधिसुचोवण्यो पयलींच जारी केल्यात अशें मुखेलमंत्री  प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. कायदेशीर कार्यपद्दती पुराय जातकच अर्ज लोकाक मेळटले अशें तांणी सांगलें. दसकां आदीं पुनर्वसन कार्यावळी खाला वांटिल्ले फ्लॅट सध्याच्या लोकांच्या नांवानय हस्तांतरीत करतले अशें सावंत हांणी सांगलें. केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हांच्या हाजिरेंत म्हाझे घर येवजण औपचारीकपणान सुरू जातली अशें तांणी जाहीर केलें.

<u>गणेश 60</u>

गोंयच्या नगरपालिकांक नितळसाणी खातीर इनामा दिवपी येवजण तयार जातली.  3 लाख ते 10 लाखां मेरेन इनामा दिवपाची घोशणा शार उदरगत खात्याचे मंत्री विश्वजीत राणे हांणी केल्या. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी स्वत हातात झाडू घेवन नितळसाण मोहीमेचो शुभारंभ केल्लो.हे मोहीमेक बरेच येस मेळलां. नितळसाणीचे म्हत्व सगळ्यांक कळपाक मजत जाली. केंद्र सरकार वतीन  नितळसाणी खातीर बरीच इनामा आसा. आता गोंय

सरकारवतीन लेगीत नितळसाणी खातीर पालिकांक इनामा दितले, अशें तांणी सांगलें.

<u>आकाशवाणी 50</u>

नवी दिल्लीतल्या आकाशवाणीच्या परिसरात सुरू आशिल्या सेवा पखवाड्याचो भाग म्हणून आज स्वच्छता प्रतिज्ञा आयोजित केल्ली. आकाशवाणीचे महासंचालक राजीव कुमार जैन हाणी आकाशवाणीच्या अधिकारी आणि कर्मचाऱ्यांक स्वच्छता प्रतिज्ञा दिली. स्वच्छतेखातीर दरवर्सा १०० वरां स्वयंस्फूर्तीन काम करपाचे आवाहन ताणी केले. या प्रतिज्ञापत्रात कोयर उडोव नाकात  आणि हेरांक कोयर करूंक दिव नाकात हाचेर भर दिलो.

<u>पेन्शन 70</u>

अर्थ मंत्रालयान पात्र केंद्र सरकारी कर्मचारी आणि माजी निवृत्त व्यक्तीं खातीर राष्ट्रीय पेन्शन प्रणाली (NPS) तल्यान युनिफाइड पेन्शन स्कीम (UPS) त बदल करपाक 30 सप्टेंबर ही निमणी तारीख जाहीर केल्या. एका निवेदनात, मंत्रालयान म्हणला की UPS अंतर्गत पात्र कर्मचारी फक्त एकदाचNPS त स्विच करू शकतात. निवृत्ती आदी किमान एक वर्स पयली वा स्वेच्छा निवृत्तीच्या तीन महिने पयली ही स्विच वापरूंक जाय. कर्मचाऱ्यांक त्यांच्या निवृत्ती उपरांतच्या आर्थिक सुरक्षेचे नियोजन करपाक पर्याय दिवप हो उद्देश आसा.

<u>स्टोक 45</u>

आजच्या व्यवहाराच्या निमण्या वरांत  बेंचमार्क देशांतर्गत शेअर बाजारातलो शेअर बाजार निर्देशांक, सेन्सेक्स आणि निफ्टी दिसाच्या वाढीक कायम दवरपाक अपेशी थारले आणि ते किरकोळ वाडले. निमणो अहवाल आयलो तेन्ना सेन्सेक्स ५७ अंकांनी वाढून ८२ हजार ७५० चेर पावलो, तर निफ्टी १९ अंकांनी वाढून २५ हजार ३४९ चेर पावलो.

<u>DIP 90</u>

खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान 2023-24 आनी 2024-25 वर्सांच्या राज्य युवा पुरस्कारां खातीर युवा उदरगतीच्या मळार तोखणायेची सेवा करपी सक्रीय आनी क्रियाशील व्यक्ती आनी आपवावूरपी संघटनां, महाविद्यालयां, युवा क्लब आनी बिगर सरकारी संघटनां कडल्यान अर्ज मागयल्यात.

वैयक्तिक पुरस्कारा खातीर 15 ते 29 वर्सां पिराये मदले युवक अर्ज करपाक पात्र आसात. अर्ज नमुनो, पात्रतायेचे नेम आनी अटी आनी हेर म्हायती खेळ आनी युवा वेव्हार संचालनालयाच्या  व्हेबसायटीचेर आसा.

पुराय भरिल्ले अर्ज केल्ल्या सेवेचे प्रमाणपत्र आनी  दाखल्या सयत 17 ऑक्टोबरमेरेन खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालय, कांपाल पणजी हांगा सुपुर्द करचे.

स्वच्छ सागर 190

भारत सरकारच्या पृथ्वी विज्ञान मंत्रालयाच्या राष्ट्रीय दर्यादिग संशोधन केंद्र (एन सी सी आर) यांच्या सहकार्यान सीएसआयआर- आनी राष्ट्रीय समुद्र विज्ञान संस्थ(एनआयओ) न पणजीत मिरामार दर्यादिगेर स्वच्छ सागर सुरक्षित सागर अभियाना अंतर्गत दर्यादिग स्वच्छता मोहीम आयोजित केली. मंत्रालयाचे सचिव डॉ. एम. रविचंद्रन यांनी एन आय ओ आणि एन सी सी आर चे वरिष्ठ अधिकारी आणि कर्मचाऱ्यां सयत या मोहिमेचे फुडारपण केले. 20 सप्टेंबराक जावपी आंतरराष्ट्रीय दर्यादिग स्वच्छता दिसानिमित्त आयोजित समुद्रतट स्वच्छता सप्तकात एम ओ ई एस आणि हेर संबंधित विभाग विविध उपक्रम राबयतात. हे फक्त दर्या देगोच स्वच्छ करपाबद्दल न्हय तर ते आपले महासागर स्वच्छ दवरपाच्या महत्त्वाबाबत जागरूकता निर्माण करण्याबद्दल आसा कारण महासागर आमच्या खातीर महत्वाचे आसात अशे रविचंद्रन उलयले. हवामानविषयक आणि बिगर हवामानविषयक आव्हानांसारक्या खुपशा आव्हानांक महासागरांक तोंड दिवचे पडटा. महासागर आणि परिसंस्था स्वच्छ आणि निरोगी दवरुक आमी लानसान उपक्रम राबोवप अत्यंत गरजेचे आसा,अशे ते उलयले.

या कार्यक्रमात नागरिक, विद्यार्थी समुदाय, स्वयंसेवी संस्था आणि सामुदायिक गटांचो व्हडा प्रमाणात सहभाग आसलो. एकठाय केल्लो कोयर वेगवेगळ्या श्रेणींत विभागुन तो पणजी शाराच्या महानगरपालिकेकडे दिलो.स्वच्छ दर्या, सुरक्षित दर्या अभियाना वरवी पृथ्वी विज्ञान मंत्रालय देशभरातल्या दर्यादिग स्वच्छता मोहिमेंक चालना दिता. हे अभियान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीनी कल्पना केल्या स्वच्छ भारत अभियानांतर्गत भारत सरकारच्या स्वच्छता ही सेवा या विद्यमान उपक्रमा कडे सुसंगत आसा.

Gst 50

या महिन्याच्या ३ तारखेक जीएसटी कौन्सिलान नेक्स्ट जनरेशन जीएसटी सुधारणांची मालिका जाहीर केली, जाका लागुन कर कपात करून सामान्य मनशाक व्हड थाकाय मेळल्या. नवीन कर रचने अंतर्गत, लाकूड,फातर वा धातूपासून केल्यो मूर्ती, जाचेर आदी १२ टक्के जीएसटी आशिल्लो तो, आता ५ टक्के स्लॅबात येतलो.

स्वच्छता 50

भौशीक सुवातेर नितळसाण मोहिमेत वांटो घेवपा खातीर वाणिज्य खात्यान आयज देशभरांतल्या आपल्या सगळ्या कार्यालयांनी आनी संबंदीत संस्थांनी स्वच्छता ही सेवा 2025 मोहीम सुरू केली. भौशीक सुवाती निवळ करपाच्या सरकाराच्या यत्नांक आदार दिवपा खातीर रस्ते, शाळांचे परिसर, बाग आनी कार्यालयीन सुवातेची नितळसाण करपाचो आस्पाव ह्या मोहिमेंत आसा अशें वाणिज्य मंत्रालयान सांगलें.

DIP 30

जिल्लो दंडाधिकारी कार्यालय, उत्तर गोंय बेकायदेशीर रेंव उत्खनन रोखपा खातीर तालुक्या पांवड्यार एक भरारी पंगड स्थापन केला आनी बेकायदेशीर रेंव उत्खनन

प्रकरणांचेर नदर दवरून योग्य कायदेशीर कारवाय करपाक उपजिल्होधिकारी, मामलतदार आनी तलाठी सयत सरकारी अधिकाऱ्यांक निर्देश दिला.

स्पोर्ट्स 20

सौराष्ट्र क्रिकेट असोसियेशनाच्या २३ वर्सा सकयल्या युवा एका दिसाच्या क्रिकेट सर्तीत गोय पगडान गुजरात पगडाचेर सात विकेट राखून दणदणीत जैत जोडले

वेदर 30

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 29.3 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २४.४ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी हल्को ते मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता